**Panaji regional news**

**04 May 2025, 7.20pm**

**शिरगांवां**

शिरगांवां जी घडणूक घडली ती सामकी दुर्दैवी आशिल्ली. जात्रेक प्रशासन तशेंच भावीक, भक्त धोंड ह्या सगल्यांनी योग्य तरेन लक्ष दिवप गरजेचें. ह्यान फुडें ते विशीं सरकार विशेश काळजी घेवपाचे नदरेन म्हत्वाचीं पावलां उबारतले अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

शिरगांवां जाल्ले खेटाखेटींत मरण आयिल्ले सुर्या मयेंकार हांच्या कुटुंबीयांक मुख्यमंत्री येवन मेळ्ळी. ह्या वेळार तांणी सगले तरेची मजत करतलों अशी गवाय दिली.

सरकारान जी धा लाखांची मजत जाहीर केल्या, ती बारा दिसां उपरांत तांकां दितले अशेंय मुख्यमंत्र्यान म्हणलें.

जात्रेक धोंड आनी भाविकांनी योग्य तरेन जतनाय घेवप गरजेचें. हे नदरेन प्रशासनूय आतां चड सक्षमपणान लक्ष दिवन, तशेंच म्हत्वाचे निर्णय घेतना, असल्यो घडणुको केन्नाच घडच्यो न्हय हाची जतनाय घेतलें, अशें तांणी सांगलें.

नयेकर परिवाराची

मेळ्ळे उपरांत मुख्यमंत्री भावूक जाले

घडणूक घडिल्ल्याक मुख्यमंत्री बरेच भावूक जाले. जी घडणूक घडली ते विशीं तांकांय बरोच धक्को बसलो. बरोच धक्को बसलो. तीन दीस सगळ्यो सरकारी कार्यावळी रद्द केल्यात.

जांकां मरण आयलें तांचे आत्महत्त्येक सद्गती मेळू अशें मागणें तांणी केलें.

ही घडणूक कित्याक लागून घडली हाचीं कारणां सोदपा खातीर मुख्यमंत्र्यांनी एक विशेश समिती नियुक्त केली. ती समिती तपास करता. हे समितीचो अहवाल येवपाक कांय दीस लागतले, अशें मुख्यमंत्र्यांनी सांगलें.

**भलायकी केंद्रा**

शिरगांवां शेनवारा सकाळी जाल्ले खेटाखेटींत ६ जाणांक मरण आयिल्लें, जाल्यार सुमार ८० जाण जखमी जाल्ले. जखमींचेर सांखळे, दिवचल भलायकी केंद्रा सयत म्हापशें आझिलो आनी गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलांत उपचारा खातीर दाखल केल्ले. जीएमसींत शेनवारा १३ जखमींक दाखल केल्ले. शेनवारा ह्या मदल्या ४ जाणांची भलायकी सामकी गंभीर आशिल्ली. आयज आयतारा ४ जाणां मदल्या २ जखमींची भलायकी सुदारल्या. दोगांची भलायकी आजूनय गंभीर आसा. खासा दोतोरांची समिती तांचेर उपचार करता. आझिलो हॉस्पिटलांत आजूनय दोन जखमींचेर उपचार सुरू आसात. तांची भलायकी सध्या सुदारल्या.खेटाखेटीचे घडणुके उपरांत भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हांणी भलायकी सचिव अरूणकुमार मिश्रा, गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलाचे डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार, वैजकी अधीक्षक डॉ. राजेश पाटील, खास अधिकारी डॉ. राजनंदा देसाय आनी हेर विभाग मुखेल्यांची बसका घेतली. हे बसकेंत भलायकी गंभीर आशिल्ल्या जखमींचेर उपचार करपा खातीर डॉक्टरांचे पंगड व्हेले. हे पंगड गंभीर जखमींच्या उपचारांचेर लक्ष दवरून आसात, अशी म्हायती अरूणकुमार मिश्रा हांणी दिली. रगांव खेटाखेटींत जखमी जाल्ल्यां मदीं दोगां जाणांची भलायकी आजूनय गंभीर आसा. तांचेर गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलांत

उपचार सूरू आसात. दोगांची भलायकी सुदारल्या. तांच्या जिवाक आतां कसलोच धोको ना. म्हापशेंच्या आझिलो हॉस्पिटलांत उपचार घेवपी ८ जखमीं मदल्या ६ जाणांक डिस्चार्ज दिला. राज्याचे भलायकी सचीव अरूणकुमार मिश्रा हांणी ही म्हायती दिली.

**भारतीय वेंचणूक आयोग**

: भारतीय वेंचणूक आयोग बेगीनूच संबंदीत भाग धारकांखातीर वेगवेगळ्या कामाखातीर उपेगी पडटलें अशे ईसिनेट हें मोबायल एप चालीक लायतले.आयोगाच्या सध्या अस्तित्वांत आशिल्ल्या वेगवेगळ्या ४० परस अदीक मोबाईल आनी वेबसायट एप्सांचो ह्या एकाच एपांत आसपाव जातलो.ह्या एपाचो उपेग मतदार,वेंचणूक अधिकारी,राजकीय पक्ष, आनी समाजाचे हेर संबंदीत घटक करुंक शकता.ईसिनेटचो दर्शनीय भाग हो दिसपाक आकर्शक आसतलो. तेचपरी तो वापरपाकय सोपेरीतिचो थारतलो.ह्या एपाक लागून विंगड विंगड एप्स डावनलोड करून तांतूंत वेगवेगळें लोग ईन करुन उपरांत म्हायती संकलीत करपाचें काम ह्या नव्या एपाक लागून वाचतलें.ह्या नव्या एपाचेर मेळपी म्हायती ही आयोगावरवीं दिल्ली अधिकृत म्हायती आशिल्ल्यान तातूंत चड विश्वासार्हताय दिसून येतली.

**कृशी मंत्री**

कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयसीएआर कडल्यान भारतांतल्या पयल्या दोन जीनोम संपादीत तांदळाच्यो जाती नवी दिल्लींत बाजारांत हाडल्यो. ह्या दोन जातींक लागून उत्पादन खर्च उणो जातलो आनी देशांत तांदळाचें उत्पन्न वाडटलें अशें तांणी सांगलें. श्री चौहान हांणी ह्या प्रकल्पांत

वांटो घेवपी शेतकी शास्त्रज्ञांक परबीं दिवन देशांतल्या शेतकी शास्त्रज्ञांच्या क्षमतायचेर देशाचो विस्वास आसा अशें सांगलें. आयसीएआरान आपलें संशोधन थेट शेतकारांक व्हरचें पडटलें अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या विक्षित भारताच्या थारावांत हें संशोधन एक मार्गदर्शक  थारतलें अशें श्री चौहान हांणी सांगलें. वाडत वचपी लोकसंख्येची पोशणाची मागणी पुराय करपा खातीर देशांत उत्पादन वाडोवपाची गरज आसा अशें मंत्री हांणी सांगलें. हे दोन जाती फकत शेतकारांकच न्हय तर भौसाकय फायदेशीर आसात अशें तांणी सांगलें.

**WAVES**

WAVESांतलो स्टार्टअप एक्सिलरेटर प्रोग्राम वेवX सुमार 15 स्टार्टअपांक निधी आकर्शीत करतलो अशें अदमास आसा. आयएमएआयचे मुखेल वाड अधिकारी संदीप झिंगरान सांगलां की, वेव्स एक्स खातीर वेगवेगळ्या स्टार्टअपांनी वट्ट एक हजार अर्ज सादर केल्यात.तातूंतल्या सुमार 30 जाणांनी वेव्सांतल्या गुंतवणूकदारांक आपले विचार मांडल्यात. तांणी जोडलें की, हाचे भायर सुमार 110 स्टार्टअप वेव्साच्या स्टार्टअप मंडपांत आपलीं कल्पना सादर करतात.तशेंच तांकां कांय प्रमाणांत निधी मेळटलो अशी अपेक्षा आसा.स्टार्टअप गुंतवणूकदार राजेश जोशी हांणी वेव्साचेर खोशी उक्तायल्या आनी ताका लागून स्टार्टअप एकाच सुवातेर एकठांय करपाक मजत जाली अशें सांगलां. वेव्स एक्सचे नोडल अधिकारी आशुतोष मोहले हांणी सांगलें, ह्या यशाक लागून वेव्स एक्स वेव्स समिट उपरांत चालू उरतले.

**नीट ही चांचणी**

आयज वैजकी शिक्षण प्रवेशाखातीरची नीट ही चांचणी परीक्षा जाली.एन टि ए म्हळ्यार राष्ट्रीय चांचणी संस्थेचे वतीन आयज देशांतल्या ५००० केंद्रां चेर तशेंच परदेशांत तेरा केंद्रां चेर ही परीक्षा जाली.संबंदीत परीक्षेखातिर साडे बावीस

लाखांपरस चड विद्यार्थ्यांनी नोंदणी केल्ली.वेगवेगळ्या राज्यांतल्या ३५ शारां मदीं २ लाख ७९ हजार विध्यार्थी हे परीक्षेक बशिल्ले.

**वाठारांत बिबट्याक**

पेडणें. फाटल्या कितल्याशाच म्हयन्यां सावन तुयें पंचायत वाठारांत बिबट्याक लागून भंयाचें वातावरण पातळिल्लें. तांणी जायत्या घरांतल्या सुण्यांक, माजरांक खाल्लीं. तशेंच्या गायेच्या वासरांकूय तांणी खाल्ल्यान ह्या सगळ्या वाठारांत भंय निर्माण जाल्लो.ह्या बिबट्याचो बंदोबस्त रान खात्यान करचो हाका लागून लोक मागणी करताले. ते प्रमाण रान खात्यान तुयेंच्या कृष्णा नायक हांच्या घरा लागसारा पांजरो घालो. तातूंत काल रातीं हो बिबटो आडकलो. रान खात्याच्या ह्या येसाक लागून हांगाच्या लोकांनी समाधान उक्तायलां.

**आनी आतां हवामान**

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी वाडल्या.पणजेचें तापमान चडांत चड ३५.५ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २७.५ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.हवामान खात्यान फुडल्या सात दिसांखातीर राज्यांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३६ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान २६ तें २७ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.फुडल्या ३ तें ४ दिसांत चडांत चड तापमान १ तें २ अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.